# कोयर वेवस्थापनाचेर पॅनल डिस्कशन जालें

ता. 13 जून 2022

उत्तर गोंय जिल्हा कायदो सेवा प्राधिकरणान आयज पिळर्ण पंचायत सभाघरांत राष्ट्रीय कायदो सेवा प्राधिकरणाच्या सहकार्यान बार्देस म्हालातल्या दर्यादेग वाठारांतल्या कोयर वेवस्थापनाचेर चर्चासत्र आयोजीत केल्ले.

गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक डॉ. लेविन्सन जे. मार्टिन हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ल्या चर्चासत्रात उत्तर गोंय जिल्हा कायदो सेवा प्राधिकरणाच्यो सचीव श्रीमती विजयालक्ष्मी आर. शिवोलकर, गट विकास अधिकारी श्री. शिवप्रसाद नाईक, पुलीस उपनिरीक्षक आतिकेश खेडेकर हांणी चर्चेत वाटो घेवन कोयर वेवस्थापनासंबंदी साबार प्रस्न मांडले.

डॉ. लेविन्सन जे. मार्टिन हांणी कोयर हो दिसानदीस तयार जाता म्हणपाचे सांगून एकामेकाक दोश दिनासतना संबंदीत पंचायतीनी कोयराच्या वेवस्थापनाखातीर प्रयत्न करपाची गरज उक्तायली.

ह्या चर्चासत्रात कोयर वेवस्थापना संबंदीत साबार विशयांचेर चर्चा जाली.

सुरवातीक उत्तर गोंय जिल्हा कायदो सेवा प्राधिकरणाच्यो सचीव श्रीमती विजयालक्ष्मी आर. शिवोलकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

श्री. धिरज चोडणकर हांणी कोयर वेवस्थापन कामाची म्हायती दिली.

सुजान कोशी, रोशन माथियास हांणी कोयराच्या राशींविशीं म्हायती दितना आपले अणभव सांगलें.

पर्यावरण शिक्षण केंद्राचे संचालक सुजीत डोंगरे, पंचायतींचे सरपंच, पंच आनी सचीव ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/406

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji